**मुखेल वेंचणूक अधिकारी कुणाल हांणी मतदार जागरूकताय गीताचे लोकार्पण केले**

ता. 7 ऑक्टोबर 2021

मुखेल वेंचणूक अधिकारी श्री. कुणाल हांणी आयज मतदार जागरूकताय गीताचे लोकार्पण केले. लोकांमदी मतदान, मतदार वळेरींत नावनोंदणी, वेंचणूक प्रक्रियेत लोकांचो सहभाग हे विशीं जागरूकताय निर्माण करपाखातीर मुखेल वेंचणूक अधिकारी कार्यालया वतीन अनेक उपक्रम राबोवपात येता.

हे गीत नवरात्रां उत्सवाच्या गरबा नाच संगीत तालाचेर आदारीत आसा. तशेंच खास करून दिव्यांग मतदारांमदी जागृतीखातीर सांकेतीक भाशेचोय गीतात आस्पाव केला आनी ते खातीर जोसेफिना फर्नांडिस ह्या भारतीय सांकेतीक भाशा दुभाशकाच्या सेवेचा आदार घेतला.

अतिरिक्त मुखेल वेंचणूक अधिकारी नारायण सावंत, जोड अतिरिक्त मुखेल वेंचणूक अधिकारी, श्रीमती आयशा वायंगणकर, उप मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्रीमती संगीता नाईक, नोडल अधिकारी SVEEP श्री प्रवीण गावस, वेंचणूक आयकॉन श्रीमती बिंदिया वस्त, भारतीय सांकेतीक भाशा दुभाशक श्रीमती जोसेफिना फर्नांडिस, उप जिल्हाधिकारी श्री. गुरुदास देसाई आनी सीईओ कार्यालयाचे हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

हे गीत श्रीमती बिंदिया वस्त हांणी बरयला आनी संगीतबद्द केला. संगीत श्री मुकेश घाटवाळ हांचे आसा. श्रीमती बिंदिया वस्त, श्री प्रवीण गावस आनी मुकेश घाटवाळ हांणी गीत गायला. व्हिडिओ संपादन श्री समीर आडकोणकर हांणी केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/835

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji